## हॉस्पिटॅलिटी, रिटेल, इव्हेंट वेवसायातल्यो करियर संदी विशयाचेर वेबिनार जालो

ता. 5 ऑगस्ट 2021

गोंय मुख्यमंत्री कार्यालय आनी खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालया वतीन काल गोंयच्या तरणाट्यांखातीर "हॉस्पिटॅलिटी, रिटेल, इव्हेंटस् वेवसायातल्यो करियर संदी" ह्या विशयाचेर Dr pramod Sawant,s YouTube channel आनी CMO Goa Facebook page चेर लाईव्ह वेबिनार आयोजीत केल्लो.

हो वेबिनार गोंयच्या विद्यार्थ्यांक आनी युवकांक योग्य करियर निवडपाखातीर आवश्यक मार्गदर्शन करून तांका सक्षम करपाच्या उद्देशान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सुरू केल्ल्या कार्यक्रमाचो एक वाटो आसा.

वेबिनाराच्या सुरूवातीक विद्यार्थ्यीं आनी युवकांक मार्गदर्शन करतना मुख्यमंत्र्यान ह्या पयली जाल्ल्या दोनीय वेबिनारांक विद्यार्थ्यां वांगडाच तांच्या पालकांकडल्यानय बरो प्रतिसाद मेळिल्ल्याचे सांगलें. विद्यार्थ्यांक उपलब्ध शिक्षणीक अभ्याक्रमांची म्हायती दिवन तांकां योग्य अभ्यासक्रमाची निवड करपाक मदत करप, जेणे करून ते आपल्या आवडीच्या क्षेत्रांत करियर करपाक शकतले. पयल्या दोन वेबिनारांक मेळिल्लो प्रतिसाद पळोवन ह्या फुडें अशां तरेन आनीक वेबिनार आयोजीत करपाचो निर्णय घेतला, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

आमच्या युवकांच्या उज्ज्वल भविश्याखातीर मुख्यमंत्र्यांचे कार्यालय, उच्च शिक्षण संचालनालयान अशां वेबिनारांचे आयोजन केला आनी हो वेबिनार राज्य युवा धोरण कार्यक्रमाखाला खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या जोड पालवान आयोजीत केला, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें म्हणले, जर शेजारची राज्यां महाराष्ट्र, कर्नाटक वा जम्मू-काश्मिर आनी पुर्वांचल मिझोराम, उडिसा वा शिमला सारख्या राज्यांतल्या युवकांक गोंयांत पर्यटन वा हॉटेल उद्देग क्षेत्रांत नोकऱ्यों मेळटात जाल्यार आमच्या युवकांनी फाटी कित्याक रावपाक जाय, असो प्रस्न करून तांणी गोंयच्या युवकांक आवश्यक कुशळटाय मेळोवन गोंयांत पर्यटन, हॉस्पिटॅलिटी, रिटेल, इव्हेंटस् उद्देग वेवसायात नोकऱ्यों मेळोवपाचो उलो मारलो. आमचे राज्य हे पर्यटन राज्य, राज्यांत प्रत्येक वर्सा सुमार 80 लाख पर्यटक येतात आनी त्या खातीर रोजगारांखातीर भरपूर संदी आसात आनी आमचे युवक ह्या क्षेत्रांत नोकऱ्यों मेळावन आपले भविश्य घडोवपाक शकतात. गोंयच्या युवकांक पर्यटन, हॉस्पिटॅलिटी, रिटेल, इव्हेंटस् उद्देग वेवसायातल्या रोजगार संदीचेर मार्गदर्शन करपाखातीर सरकारान पयलेच फावट खाजगी क्षेत्रांतल्या जाणकारांक आमंत्रीत केल्ल्याचे सांगून मुख्यमंत्र्यान विद्यार्थ्यांक परजळींत फुडाराखातीर परबीं दिली.

वेबिनारात ताज गोवाचे विभागीय संचालक विन्सेंट रॅमोस हांणी हॉस्पिटॅलिटी, पर्यटन, हॉटेल्स उद्देग क्षेत्रांतल्या संदींचेर मार्गदर्शन केले.

मॅगसनचे सीईओ किरिट मगनलाल हांणी रिटेल उद्देगांतल्या कॅरियर संदींचेर आनी क्रॉसक्राफ्टचे वेवस्थापकीय संचालक सेर्राव सुकूर हांणी इवेंट्स मॅनेजमेंट क्षेत्रांतल्या कॅरियर संदींचेर मार्गदर्शन केले.

शाळां, महाविद्यालयांचे विद्यार्थी, युवक, शिक्षक आनी पालकांनी ह्या वेबिनाराचो लाव घेतलो.

श्रीमती पुनम एकावडे सिरसाट हांणी वेबिनाराचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/647

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji